# PANAJI REGIONAL NEW 11.08.2025, 7.25 am

## अपार 65

आज आणि फाल्या मेगा अपार नोंदणी खातीर हें दोनूय दिसांभितर सगळ्या शाळांनी विद्यार्थ्याच्या अपार वळख क्रमांक नोंदणे खातीर मोहीम आंखची अशें आवाहन शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी केलां. विद्यार्थ्यांची शिक्षणीक प्रगतीचो आढावो घेवपा खातीर आनी 'एक विद्यार्थी - एक वळखपत्र ' उद्दिष्ट साध्य करपाखातीर ही मोहीम आंखल्या अशें शिक्षण संचालनालयान प्रसिद्धी पत्रकांत म्हळां. आपल्या विद्यार्थ्यांच्यो नोंदी अद्ययावत करच्यो आनी तांचे अपार वळखपत्र तयार करचे अशें आवाहन शिक्षण संचालकांनी केलां.

## कॉलेरा 60

दक्षिण गोयांतली मुखेल नुस्तेमारी जेटी आशिल्ल्या कुटबण जेटीचेर एक कॉलेराचो दुयेंत सापडिल्यान हे जेटीचेर जातनायेचे उपाय सुरू केल्या .काल ह्या जेटीचेर काम करपी स कामगारांक हागवण सुरू जाल्ल्यान तांका हॉस्पिटलात दाखल केल्ले तातूंत एकल्याक कॉलेरा जाल्ल्याचे सापडले अशी माहिती साथीचे रोग विभागाचे मुखेल डॉ. उत्कर्ष बेतोडकार हाणी दिली.ह्या दुयेंतीक गोय वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिटलात दाखल केला. जाल्यार हेर पाच जाणांक घरा धाडल्यात अशी माहिती दिली.

## Nsd 110

राष्ट्रीय राजधानीत ‘संडे ऑन सायकल फिट इंडिया’ कार्यक्रमात सहभागी जातना मंत्री मनसुख मांडवीच हाणी सांगले की देशभरात ४० हजारांपरस चड सुवातीनी फिट इंडिया संडे ऑन सायकल चळवळीन सात लाखां परस चड सहभागींक आकर्षित केला. पंचायत प्रतिनिधींसयत ३५ व्या फिट इंडिया संडे ऑन सायकल तिरंगा रॅलीक पाचवो बावटो दाखयले उपरांत उलयताना ताणी सांगले की देशभरातल्यान ५० हजारांपरस चड गावांतल्या पंचायत प्रतिनिधींनी हातुंत वांटो घेवन  ग्रामीण भारतात फिट इंडियाचो संदेश पातळायला

सायकलिंगच्या वेगवेगळ्या फायद्यांचेर ताणी भर  दिलो जा तुन व्यक्तीची भलायकी तशेच पर्यावरणाची भलायकी दोनुय आसपावता. फिट इंडियाचो संदेश पातळायतना, सायकलिंगाक येरादारीचे एक लोकप्रिय साधन करपाक फक्त, आयताराच न्हय तर दिसपट्या जीणेचो एक भाग म्हणून मनापासून सायकलिंग स्वीकारपाचे आवाहन मंत्र्यांनी नागरिकांक केले. Byte

## सर्त 95

खांडोळेच्या सरकारी कला विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान राष्ट्रीय युवा दिसा निमतान राज्य पांवड्यावेली अखील गोंय आंतर उच्च माध्यमिक उलोवपाची सर्त घडोवन हाडल्या.

सर्व धर्म समभाव आनी तरणाटे - ह्या विशयाचेर जावपी ह्या उलोवपाचे सर्तींत दरेका उच्च माध्यमिक विद्यालयांतल्यान चडान चड दोन सर्तक विद्यार्थी वांटेकार जावंक शकतात. उलोवप करपाक चडान चड पांच मिनीटां वेळ दितले. ही सर्त फक्त कोंकणी भाशेतल्यानूच जातली. शब्दोच्चार , आशय , अभिव्यक्ती आनी एकंदर प्रभाव ह्या निकशांचेर सर्तीचे परीक्षण जातले. ११ ऑगस्ट मेरेन सर्ती खातीरची नावा धाडूंन दिवंची अशे आवाहन खांडोळेच्या सरकारी कला विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालयाच्यो प्राचार्य डॉ. पूर्णकला सामंत हाणी केलां.

## तिरंगा 100

नागरीकांमदी देशभक्ती भावना निर्माण जावची ह्या हेतान 13- 15 ऑगस्ट ह्या काळात हर घर तिरंगा उपक्रम राबयला ह्या अशी म्हायती भारतीय जनता पार्टीचे अध्यक्ष दामोदर नायक हांणी पत्रकार परीशदेत दिल्या . हर घर तिरंगा ह्या उपक्रमाक सदाच बरो प्रतिसाद मेळला. अंदुय तो मेळटलो असो विस्वास ह्यावेळार तांणी व्यक्त केला. हर घर तिरंगा उपक्रमाच्या फांटभुयेंर राज्यातल्या सगळ्या भाजप मंडळानी वेगेवगळ्या खासा कार्यावळीचें आयोजन केला. ह्या कार्यावळीत गोंयकारांनी वाटो घेवचो अशेय आवाहन नायक हांणी केला. 15 ऑगस्टा उपरांत तिरंगा काडून तो वेवस्थित सामाळुन दवरचो, कशाय कसो उडोवचो न्ही अशेय आवाहन तांणी केला हे शिवाय 12-14 ऑगस्ट मजगती शहिद प्रतिमा स्वच्छता अभियानाचे आयोजन राज्यात जातले.

## द्विवेदी 90

लष्करप्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांणी ऑपरेशन सिंदूरचे वर्णन एक धोरणात्मक, उच्च-स्तरीय मोहीम म्हणून केला जातुन लष्करी अचूकता आणि राजकीय स्पष्टता आसपावता. काल आयआयटी मद्रास हांगा विद्यार्थी आणि प्राध्यापकांक संबोधित करताना त्यांनी २२ एप्रिलाक पहलगाम हांगा केल्या भयानक दहशतवादी हल्ल्या उपरांतच्या काळात ऑपरेशनची कल्पना आणि अंमलबजावणी कशी केली हाचो उगडास काडलो. ऑपरेशनच्या नियोजन आणि अंमलबजावणीबद्दल दुर्मिळ माहिती सामायिक करताना ताणी म्हणले की, तिनुय सैन्य प्रमुखांनी निर्णायक कारवाईची आवश्यकता आसा हाचेर सहमती दर्शयली आणि तांका मार्ग थारोवपाचे पूराय स्वातंत्र्य दिले. अशा प्रकारची राजकीय दिशा आणि स्पष्टता सैन्यान पयलेच फावट पळयली अशे ताणी म्हळे

## Sports 50

माजोर्डेच्या सेंट रॉक्स YSC न कुंकळ्ळी युनियनाक 4-3 अशा फरकान हारोवन बेताळभाटी व्हिलेजर्स कप आंतरगांव फुटबॉल सर्तीचे सेमी फायनलींत सुवात मेळयली. मॅच बेताळबाचीच्या पंचायत मैदानाचेर जाली. सेंट रॉक्सा वतीन ॲश्ली रॉड्रिग्सान दोन जाल्यार ॲश्ली मॅण्डीस आनी ऑस्कर ब्रागांझा हांणी एकेक गोल केलो. कुंकळ्ळी वतीन विराज वेळीपान दोन आनी तुषार गांवकारान एक गोल केलो.

## IMD 40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण राज्यात काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 45 ते 55 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 65 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला